Panaji National 4th October 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्ली सावन 62 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या तरणाट्यां केंद्रीत उपक्रमांचें अनावरण करतले.

बिहार विधानसभा वेंचणुकेचे तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर मुखेल वेंचणूक आयोगाचो पंगड दोन दिसांच्या भेटेर पाटणाक पावला.

वेंचणूक आयोगान केंद्रीय निरीक्षकांक राजकीय पक्ष, उमेदवार आणि मतदारांच्या कागाळींचे निवारण करपा खातीर उपलब्ध रावपाचे निर्देश दिल्यात.

शेतकी शिक्षणाक व्हड उर्बा दितना केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी शेतकी विद्यापिठांतल्या पदवीधर सुवातींचे 20 टक्के जागे अखिल भारतीय स्पर्धात्मक परिक्षे वरवीं भरतले अशें जाहीर केलें.

अहमदाबादांत वेस्ट इंडीज आड जावपी पयले कस लावपी क्रिकेट खेळाच्या  तिसऱ्या दिसा आयज भारत  आपलो डाव पांच बाद  448 धांवड्यां वेल्यान मुखार खेळटलो.

PM – 130

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्ली सावन 62 हजार कोटी रुपया परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या तरणाट्यां केंद्रीत उपक्रमांचें अनावरण करतले. तरणाट्यांच्या कुशळटाये खातीरच्या इतिहासीक उपक्रमांत प्रधानमंत्री देशभरांतल्या एक हजार सरकारी आयटीआयच्या अपग्रेडेशन खातीर PM-SETU सुरू करतले.

तशेंच प्रधानमंत्री मोदी बिहारच्या सुधारित मुख्यमंत्री निश्चय स्वयं सहाय्यता भत्ता येवजन सुरु करतले. हे येवजणे खाला 5 लाख पदवीधरांक दोन वर्सां खातीर म्हयन्याक एक हजार रुपया भत्तो दितले. उद्देग केंद्रीत अभ्यासक्रम आनी वेवसायीक शिक्षणाक चालना दिवपा खातीर बिहारांत जन नायक कर्पूरी ठाकुर कौशल्य विद्यापिठाचें ते उक्तावण करतले. प्रधानमंत्री बिहारांतल्या चार

विद्यापिठांनी नव्या शिक्षणीक आनी संशोधन सुविधांचो बुन्याद घालतले, आनी बिहटात NIT पाटणाच्या नव्या कॅम्पसाचें लोकार्पण करतले.

प्रधानमंत्री देशांतल्या 34 राज्यां आनी केंद शासित प्रदेशातल्या नवोदय विद्यालयांनि आनी एकलव्य आदर्श निवासी शाळांनी स्थापन केल्ल्या 1,200 वेवसायीक कुशळटाय प्रयोगशाळांचे उक्तावण करतले.

EC - 70

बिहार विधानसभा वेंचणुकेचे तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला आयोगाचो पुराय पंगड दोन दिसांच्या भेटेर पाटणाक पावला. ह्या शिश्टमंडळांत वेंचणूक आयुक्त सुखबीर सिंग संधू आनी विवेक जोशी हांचो आस्पाव आसा.

आयोगाचो पंगड आयज सकाळीं वेगवेगळ्या राजकी पक्षांच्या प्रतिनिधीं भेटून तांच्या सुचोवण्यां विशीं चर्चा करतलो. तशेंच प्रशासकीय आनी पुलीस अधिकाऱ्यां बरोबर आयोग बसका घेतलो. ह्या बसकांनी प्रशासकीय आनी कायदो आनी सुवेवस्थेचे तयारेचो नियाळ घेतले.

EC – 40

मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हाणी केंद्रीय निरीक्षकांक राजकीय पक्ष, उमेदवार आणि मतदारांच्या कागाळींचे निवारण करपा खातीर उपलब्ध रावपाचे निर्देश दिल्यात. कुमार हाणी बिहार विधानसभा वेंचणुके खातीर आनी कांय राज्यांतल्या पोट वेंचणुके खातीर तैनात केल्ल्या केंद्रीय निरिक्षकांक हें विधान सांगले.

Air Force – 55

वेगान आनी अचूकतेन आपले उद्दिश्ट साध्य करपी संघर्श म्हणून ऑपरेशन सिंदूराची याद उरतली अशें हवाई दल प्रमुख एअर चीफ मार्शल अमरप्रीत सिंग हांणी सांगलां. 8 ऑक्टोबराक जावपा आशिल्ल्या 93व्या वायुसेना दीसा निमतान काल नवी दिल्लींत जाल्ले वर्सुकी पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. Byte

8 ऑक्टोबराक वायुसेना दिसाच्या निमतान हिंडन हवाई दळ स्टेशनाचेर वायुसेना दिसाची परेड जातली.

Shivraj Agri – 110

शेतकी शिक्षणाक व्हड उर्बा दितना केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी शेतकी विद्यापिठांतल्या पदवीधर सुवातींचे 20 टक्के जागे अखिल भारतीय स्पर्धात्मक परिक्षे वरवीं भरतले अशें जाहीर केलें. भारतीय शेतकी संशोधन मंडळ (ICAR ) "एक राष्ट्र, एक शेती, एक पंगड" ह्या भावनेक अनुसरून ही परिक्षा घेतले अशें शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालयान सांगलां. या निर्णयाक लागून बारावीत जीवशास्त्र, रसायनशास्त्र, भौतिकशास्त्र, गणित किंवा कृषी विषय शिकपी विद्यार्थ्यांक CUET-ICAR राष्ट्रीय प्रवेश परीक्षे वरवीं प्रवेश मेळपाक शकतलो. ह्या निर्णयाक लागून देशभरांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर प्रवेश प्रक्रिया सोपी आनी एकसारकी जातली, अशे घोशने उपरांत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना चौहान हांणी सांगलें. 2025-26 शिक्षणीक वर्सा सावन ती चालीक लायतले अशेंय मंत्र्यान सांगलां.

Shivraj Bihar – 50

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आज बिहारांतल्या पाटणा शाराक भेट दितले. ह्या भेटी वेळार चौहान बिहाराच्या राजधानीत मखाना महोत्सवाक हाजीर रावतले आनी रबी कार्यशाळा आनी शेतकी सल्लागार संवादांतय वांटो घेतले. तशेंच मंत्री झाडां लावपाच्या कार्यावळींत वांटो घेतले. ह्या कार्यावळींत शेतकार तशेंच शेतकार उत्पादक संघटनांचे वांगडी वांटो घेतले.

Navratri sales – 80

नवरात्रांच्या दिसांनी भारताचे उपभोक्ता अर्थवेवस्थेंत आतां मेरेनची सगळ्यांत चड विक्री जाली. सरकारान फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारना खाला कर दर उणे केल्ल्यान माल सवाय जालो. ह्या उपायांक लागून उत्पादनांचे दर उणे जाले आनी गिरायकांच्योआकांक्षा वाडल्यो. वाहनांची खरेदी वाडली, घरगुती वस्तू आनी जीवनशैलीच्या वस्तूंचेरूय खर्च वाडलो. हाका लागून सणासुदीच्या काळात विक्रमी

खप जाल्ल्यान वातावरण आनीकय उत्सवी जालें. मुखेल कार कम्पन्या कडल्यान मेळिल्ल्या आंकड्यां प्रमाण नवरात्राच्या काळांत वाहन विक्रींत लक्षणीय वाड जाल्या, फाटल्या वर्साच्या ह्याच काळाच्या तुळेंत 60 टक्क्यां ते 100 टक्क्यां मेरेन वाड जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळ्या.

Cough syrup – 100

केंद्रान सगळ्या राज्यांक आनी केंद्रशासित प्रदेशांना कफ सारोपाच्या तार्किक वापराबद्दल परामर्श जारी केल्या. दोन वर्सां पिराये सकयल्या भुरग्यांक खोंकली आनी थंडेची वखदां दिवचीं न्हय  असो सल्लो केंद्रीय भलायकी मंत्रालयान दिला. सादारणपणान पांच वर्सां पिराये सकयल्या भुरग्यांक अशीं वखदां दिवपाची शिफारस करीना. पांच वर्सां वयर पिरायेच्या भुरग्यांक अशीं वखदां दितना काळजीपूर्वक क्लिनिकल मूल्यांकन करपाक जाय. योग्य डोसाचे काटेकोरपनान पालन करचे आनी एकाच वेळार साबार वखदांचो वापर टाळचो.

मंत्रालयान हे संबंदी सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या भलायकी सेवा संचालकाक पत्र बरयलां. भुरग्यांची खोंकली चड करून आपुनशीच बरी जाता आनी चड करून वखदांचो वापर करचो पडना अशें पत्रांत म्हळां.

Sitharaman – 30

विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर आठ टक्के जीडीपी वाड दराची गरज आसा अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगले. सीतारामन काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या कौटिल्य अर्थीक परिशदेच्या उक्तावण अधिवेशनांत उलयताल्यो.

Byte – 20

Rajnath Singh – 70

२०२९ मेरेन देशाची संरक्षण निर्यात सध्याच्या २४,००० कोटी रुपयां वेल्यान ५०,००० कोटी रुपयांपर्यंत वाडतली अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी सांगले. ११ वर्सा आदीं संरक्षण निर्यात फक्त ६०० कोटी रुपयां इतली आशिल्ली अशे तांणी नमूद केले.  केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी. किशन रेड्डी हांच्या हाजिरेंत हैदराबादांत

तीन दिसांच्या जैन आंतरराष्ट्रीय वेपार संघटना -जीटो कनॅक्ट प्रदर्शनाचें उक्तावण काल संरक्षण मंत्र्यान केलें. त्या वेळार ते उलयताले.

MEA – 50

पाक व्याप्त जम्मू-काश्मीरांत जाल्ल्या भयानक मानवी हक्कांचे उल्लंघना खातीर पाकिस्तानाक जापसालदार धरपाक जाय अशें भारतान सांगला. नवी दिल्लींत मिडिया ब्रिफींग वेळार विचारिल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी पाक व्याप्त जम्मू-काश्मीरांतल्या जायत्या वाठारांनी निशेध जाल्ल्याचे वृत्तांचेर भर दिलो, तातूंत पाकिस्तानी सैन्यान निष्पाप नागरीकांचेर केल्ल्या क्रूरपणांचो आस्पाव आसा.

IMD – 30

भारतीय हवामान खात्यान आज बिहारांत दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केला. आज उदेंत उत्तर प्रदेश, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी तेलंगनात मुसळधार पावस पडपाची शक्यताय आसा.

Cricket – 50

अहमदाबादांत वेस्ट इंडीज आड जावपी दोन कस लावपी खेळा माळेच्या पयले कस लावपी क्रिकेट खेळाच्या  तिसऱ्या दिसा आयज भारत  आपलो डाव पांच बाद 448 धांवड्यां वेल्यान मुखार खेळटलो. ध्रुव जुरेल, रविंद्र जडेजा आनी के.एल. राहुल हांच्या शेकड्यांक लागून भारतीय पंगडान वेस्ट इंडीजाचेर 286 धांवड्यांची म्हत्वाची आघाडी मेळयल्या.